## देशाच्या सामाजीक आनी आर्थिक विकासात बायलांची भुमिका म्हत्वाची आसा- राज्यपाल

ता. 7 मार्च 2025

देशाच्या सामाजीक आनी आर्थिक विकासात बायलांची भुमिका म्हत्वाची आसा आनी त्या खातीर सरकार चली भुरग्याच्या सशक्तीकरणाचेर भर दिता, अशें राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें. राज्यपाल आयज राजभवनार बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान 'बेटी बचावो, बेटी पढावो' अभियानाची धा वर्सा पुराय जाल्ल्या निमतान आयोजीत कार्यक्रमात उलयताले.

भारत देश आयज आर्थिक प्रगतीच्या मळार नेटान पावलां मारीत आसा. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदिश्टी प्रयत्नांतल्यान 'बेटी बचावो, बेटी पढावो' अभियान चालीक लागले आनी आयज हे अभियान देशभर चलता. राज्य सरकारान लेगीत राज्यांत अभियानाची यशस्वी अंमलबजावणी करून चली भुरग्याच्या विकासा खातीर अनेक येवजण्यो चालीक लायल्यात, अशें राज्यपालान सांगलें.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याचे मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी समाजामदी चली भुरग्याविशीं आशिल्ली नकारात्मक भावना बदलपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगून चली भुरग्याक समाजात समान आनी आदराची वागणुक मेळपाक जाय, अशें सांगलें. राज्य सरकार बायलांची आर्थिक, सामाजीक परिस्थिती सुदारपा खातीर नेटान प्रयत्न करता. सरकारान बायलांच्या आर्थिक उदरगती खातीर अनेक येवजण्यो चालीक लायल्यात, अशेंय तांणी सांगलें.

चली भुरग्याच्या सशक्तीकरणा खातीर देशांत 'बेटी बचावो, बेटी पढावो' अभियान चालीक लायिल्ले खातीर श्री. राणे हांणी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचे अभिनंदन केले.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याचे सचीव श्री. अरूण कुमार मिश्रा हांणी सरकारान देशांत 'बेटी बचावो, बेटी पढावो' अभियान यशस्वी करपा खातीर राज्यांत अंमलबजावणी केल्ल्या येवजण्यांची म्हायती दिली.

उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्रीमती स्नेहा गीते हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याचे संचालक मान्युएल बार्रेटो, उपसंचालक श्रीमती ज्योती देसाय आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/215

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.